Panaji regional news 13.06.2025, 7.20pm

प्रधानमंत्री अहमदाबाद

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सकाळीं गुजरातांतल्या अहमदाबाद सिव्हिल हॉस्पिटलांत भेट दिवन एअर इंडिया विमान अपघातांत जखमी जाल्ल्या लोकांचि चवकशि केलि. . उपरांत सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यान अहमदाबादांतल्या विमान अपघातांक  लागून देश हादरला अशें सांगलें.

श्री मोदी हांणी विमान अपघात जाल्ल्या सुवातेरय भेट दिवन विध्वंस जाल्ल्याचें दृश्य दुख्खाचें आसा अशें सांगलें.

उपरांत श्री मोदी हांणी अहमदाबादांत नियाळ बसका घेतली. विमान अपघातांतल्यान वळखून घेतिल्लीं कुदि पोस्टमार्टमा उपरांत नात्यांतल्या लोकां कडेन दितात अशी म्हायती आमच्या संवाददारान दिल्या. आतां मेरेन स कुदि कुटुंबांतल्या वांगड्यांक दिल्यांत.

अहमदाबाद विमान अपघातांत वचपी, गुजराताचे आदले मुख्यमंत्री विजय रूपानी हांच्या निधनाचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज   दुख उक्तायलें. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी सांगलें, विजय रुपानी हांचे वांगडा खांद्याक खांद्दो  मेळून कांय आव्हानात्मक वेलर  काम केलां. राजकोट पालिका म्हामंडळांत, राज्यसभा खासदार, गुजरात भाजपा अध्यक्ष आनी राज्य सरकारांत मंत्रीमंडळ मंत्री म्हणून ताणें केल्ल्या कार्यकाळा सयत वेगवेगळ्या भुमिकेंतल्यान ताणें केल्ल्या योगदानाचो उगडास करून रुपानी हांच्या विशिश्ट कारकिर्दीचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भर दिलो.

ओला आनी उबेर

ओला आनी उबेर सारके भायले कॅब एग्रीगेटर गोंयांत येवचे नात अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी आयज स्पश्ट केलें. नवी मार्गदर्शक तत्वां फकत राज्यांतल्या येरादारी जाळवणदारांक एकठांय करप्यांक लागू जातात आनी भायल्या वेवसायिकांक  गोंयच्या येरादारी मळार येवपाक दिवचे नात अशें आश्वासन मुखेलमंत्र्यान  दिलें. आमदार मायकल लोबो, जित आरोलकार, आनी टॅक्सी ऑपरेटरां कडेन बसके उपरांत मुखेलमंत्र्यान ही म्हायती दिल्या.लोकांचा दिशाभुल जावंक फावना. आमी ही वेवस्था जाग्यार घालपाक सोदतात अशें मुखेलमंतत्र्यान म्हळा.टॅक्सी संचालक, हॉटेल मालक, आमदार सयत सगळ्या भागधारकांक आत्मविस्वासांत घेवन हो प्रस्न सुटावो जातलो अशें सावंत हांणी सांगलें. सरकारान 20 मे 2025 दिसा जाहीर केल्ल्या टॅक्सी अॅग्रीगेटर एॅपाच्या मार्गदर्शक तत्वांच्या मसुद्याक टॅक्सी संचालकांनी खर विरोध केला, ता ह्या नेमाप्रमाण  बिगर गोंयकारांक  येरादारी वेवसाय येवपाक  संद मेळटली असो भंय टॅक्सी वेवसायिकांनी व्यक्त केल्लो.

एसटीपी

राज्यभरांतल्या णव सीवरेज  ट्रीटमेंट प्लांटांतल्यान (एसटीपी) शुध्द केल्लें सांड उदक आतां बिगर पिवपाच्या वापरा खातीर फुकट उपलब्ध आसा अशें गोवा लिमिटेडच्या गटार आनी मुळावी बांदावळ उदरगत म्हामंडळान जाहीर केलां. ही सुविधा सामान्य लोकांक, वेपारी आस्थापनांक, हॉटेलां, रिसॉर्ट्स, उद्देगधंदे आनी बांदकाम कार्यावळीं खातीर उक्ती आसा. शुध्द उदक दिवपी एसटीपी कालंगूटे-बागा, पट्टो-पणजी, सांखळी, शिरदांव मडगांवा, काटे-बायणा वास्को,दुरभाट ,कोलवा आनी कवळे फोंडा हांगा उपलब्ध आसात. हें उदक शेतकी, बागकाम, भौशीक उद्यानांक शिपपाक  वापरू येता.एसटीपी लागसार आशिल्ल्या हॉटेलांच्या

गार्डनांक तशेंच फुटपाथ धुवपाक ह्याउदकाचो उपेग करु येता अशे म्हामंडळान कळीत केला. तशेंच कार्यकारी एसटीपीच्या फ3कल्पाकडल्यान 15 किलो मीटर अंतराच्या वाठारात आशिल्लया बांदकामांखातीर हे उउदक वापरपायोग्य आसा अशे म्हामंडळान कळीत केला.

रानां हक्क कायदो

मडगांव: रानां हक्क कायदो २००६ चे तजवीजे खाला केल्ले प्रलंबीत दावे फास्ट ट्रॅक पद्धतीन निकालांत काडपा खातीर दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयान प्रकल्प अधिकारा खाला १४ जून २०२५ दिसा काणकोण, धारबांदोड्यां, केपें, सांगें आनी फोंडें म्हालांत म्हाल पांवड्यार शिबीरां आयोजीत केल्यांत.

उपजिल्हाधिकारी कार्यालय, गट विकास अधिकारी, जोड मामलेदार, ग्रामपंचायत सचीव, आदिवासी कल्याण संचालनालय आनी रानां खात्याच्या समन्वयान हीं शिबीरां आयोजीत केल्यांत.

रानां हक्क दावे प्रलंबीत आशिल्ल्या दावेदारांनी आदिवासी दाखलो, स्वताचो जाहिरनामो, फॉर्म-ए, जाण्ट्या मनशाचें निवेदन वा १३ डिसेंबर २००५ पयलीं सावन जमनींत लागवड केल्ल्याचो पुरावो आनी हेर गरजेच्या दाखल्यां सयत शिबीराक हजर रावचें. काणकोणां सरकारी हायर सेकंडरी स्कुल, चावडी, धारबांदोड्यां उपजिल्हाधिकारी कार्यालय, धारबांदोड्यां, सांग्यार नगरपालिका सभाघर, केपें पंचायत सभाघर, बार्शे आनी फोंड्यां उपजिल्हाधिकारी कार्यालयांत शिबीर जातलें.

तशेंच दिल्ले दावे निकालांत काडपा खातीर संबंदीत गांवांनी शेनवार २१ जून २०२५ दिसा विशेश ग्रामसभांचें आयोजन केलें. राज्य सरकारान सगले प्रलंबीत रान हक्क दावे १९ डिसेंबर २०२५ मेरेन निकालांत काडपाचें थारायलां. रान हक्क

दावेदारांनी कसलीय मजत जाय आसल्यार संबंदीत रानां हक्क समिती वा जोड मामलेदार-१ च्या कार्यालयांत संपर्क करचो अशें कळीत केला.

## कृशी संकल्प

पंदरा दिसां परस चड काळ चलत आयिल्ल्या विकसीत कृशी संकल्प अभियानाचो समारोप सुवाळो आज आयसीएआर पोरन्या गोंयांत जालो. फाटले पंदरा दीस आयसीएआर, दोन गटांनी उत्तर गोंयांतल्या सुमार 63 गांवांनी वचून शेतकारांक आनी गांवकारांक वेगवेगळ्या सरकारी येवजण्यां विशीं म्हायती दिताले. भारत सरकाराच्या विकसीत शेती संकल्प अभियानाचो एक भाग म्हूण हो उपक्रम चालीक लायिल्लो. आयज जाल्ल्या समारोप सुवाळ्याक राज्यसभा खासदार सदानंद शेठ तनावाडे हे मुखेल सोयरे म्हणून हाजीर आशिल्ले, ह्या वेळार माच्येर कृशी खात्याचे संचालक संदीप फलदेसाय, नाबार्डाचे सरव्यवस्थापक संजय धनकर, आयसीएआरचे पदाधिकारी आनी हेर मानेस्त हाजिर अशिलले. ह्या वेळार उलयतना खासदार तनावाडे हांणी आयसीएआरच्या उपक्रमाची तोखणाय केली. देशभरांतल्या शेतकी क्षेत्रांत क्रांती घडटा आनी शेतकी क्षेत्रांतले आमूलाग्र बदल थळाव्या शेतकारां मेरेन पावोवपाचे काम आयसीएआर सारखी खाती करतात. कृषी क्षेत्रात शेतकऱ्यांक तयार करून तंत्रीक वावराची माहिती दिल्याबद्दल तांणी आयसीएआर खात्याची तोखणाय केली. वेगवेगळे प्रस्न आनी तांचीं निदर्शनां आनी शेतकारांक जाप आयसीएआर वरवीं समाधानकारक रितीन पावपाक लागल्यात अशें तांणी सांगलें. गोंय सरकार आनी भारत सरकाराच्यो वेगवेगळ्यो शेतकी येवजण्यो आनी शेतकी मळार जावपी तंत्रीक क्रांती सगळ्यां मेरेन पावोवपाच्या हेतान ही मोहीम आयोजीत केल्ली अशेंय ह्या वेळार उलयतना तांणी सांगलें.

आयसीएआर पोरन्या गोंयांत तयार केल्लीं तांदळाचीं गोवा धन पाच बींयाणे कुंभारजुवांतल्या धा शेतकारांक मानेस्तांच्या  हस्तुकी वांटली. ह्या वेळार डॉ.के.के.मनोरा हांणी पुराय कार्यावळीचो नोडल अधिकारी म्हूण कामाचेर देखरेख दवरली. आयसीएआर चे अधिकारी राहुल कुलकर्णी हांणी कार्यावळीचें सूत्रसंचालन केलें तर डॉ. संजय उद्यानवार हानी उपकाराचे उलोवप केले. हे वेळार जाल्ल्या कार्यावळींत उत्तर गोंयचे शेतकार व्हड प्रमाणांत हाजीर आशिल्ले.

## आदर्श सेवा फावंडेशनान

कुर्टी फोंडांतल्या आदर्श सेवा फावंडेशनान सुमार 850  विद्याथ्र्यांक शाळेचें साहित्य वांटलें. ह्या काय्यक्रमांत आदर्श सेवा फावंडेशनाचे आदर्श तोरस्कार, दीपिका केरकर, इजाज शेख ,तुबा मुल्ला, रियाज अहमद, डॉ.मानसी राणे, शिवराज हिरेमठ, भिवेश वारेकर आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना आदर्श तोरस्कारान आदर्श सेवा फावंडेशनाच्या वावराची म्हायती दिली. फाटल्या पांच वर्सां सावन हो उपक्रम सतत चालीक लायला आनी फावंडेशनान गरजेवंत विद्याथ्र्यांक फुकट शाळेचें साहित्य वांटपाचें काम सुरू आसा अशें तांणी सांगलें. अंदू सुमार 850 विद्याथ्र्यांक ह्या वांटपाचो फायदो जाला आनी फुडल्या दिसांनी सुमार 500 विद्याथ्र्यांक हें साहित्य वांटतले अशी म्हायती तांणी दिली. हें साहित्य वांटप कुर्टी पंचायत वाठार ,नवें आनी पोरने हावसिंग बोर्ड कॉलोनी, प्रभु नगर, दीपनगर, हवेली,  नागा मशजिद  ह्या वाठारांनी वांटली आनी फुडल्या दिसांनी ही सामग्री वेरे वाघुर्मे, खंडेपार आनी कुर्टी पंचायतीच्या हेर विभागांत वांटतले अशी म्हायती दीपिका केरकार हांणी दिली. ह्या वेळार व्हड प्रमाणांत पालक आनी विद्यार्थी हाजीर आशिल्ले.